**<u>गोंय क्रांतीदिसा स्वातंत्र्य सैनिकांखातीर कदंब बसीची वेवस्था</u>**

ता. 14 जून 2022

शेनवार ता. 18 जून 2022 दिसा सकाळी 8.45 वरांचेर पणजेच्या आझाद मैदानाचेर जावपी गोंय क्रांती दिसाच्या मुखेल कार्यक्रमाक स्वातंत्र्य सैनिकांक उपस्थित रावपाक मेळचे म्हुण गृह खात्यान कदंब बसीची वेवस्था केल्या. ता. 18 जून 2022 दिसा म्हापशेंच्या हुतात्मा चौकाकडल्यान सकाळी 7.45 वरांचेर जीए-03 एक्स-0291 ह्या क्रमाकाची बस (बस ड्रायव्हराचो मो. नं. 9588487137) स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन पणजेच्या आझाद मैदानाकडेन येतली.

आझाद मैदानावयलो कार्यक्रम सोपले उपरांत पणजी फेरी धक्क्याकडेन पार्क केल्ल्यो जीए-03 एक्स-0291 आनी जीए-03 एक्स-0447 ह्या क्रमांकाच्यो बसीं स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन आग्वाद किल्ल्याकडेन वतल्यो आनी आग्वाद किल्ल्या वयलो कार्यक्रम जाले उपरांत दोनीय बसी स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन पर्वरी आझाद भवनाकडेन वतल्यो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/409

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji